Panaji Regional 12th December 2025 7.25am

गणेश 220

बर्च बाय रोमिओ लेन ह्या क्लबाक उजो लागून २५ जाणांक मरण आयिल्ले घडणुकेक जर आयपीएस अधिकारी जापसालदार आसत जाल्यार ताची लेगीत चवकशी जातली. आयएएस, आयपीएस वा कोणूय जापसालदार आसत जाल्यार ताका सोडचे नात. चवकशी जातलीच, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केला. दंडाधिकाऱ्या वरवीं सुरू आशिल्ले चवकशेचो अहवाल आयले उपरांत घडणुकेची न्यायालयीन चवकशी करपा खातीर निर्णय जातलो, अशें मुखेल मंत्र्यानि सांगलें. हे घडणुकेचो तपास आनी सुरक्षा स्थितीचो नियाळ घेवपा खातीर मुखेलमंत्री सावंत हांणी बुधवारा बसका घेतली. BYTE

पर्यटनमंत्री रोहन खंवटे, मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक आलोक कुमार तशेंच हेर अधिकारी बसकेक हाजीर आशिल्ले. सरकारान दोन अधिकारी आनी तेन्नाच्या पंचायत सचिवांक निलंबीत केलां. हे भायर आतां मेरेन पुलिसांनी क्लबाच्या 7 जाणांक अटक केल्या. परवाने तपासपा खातीर सरकारान ऑडीट सुरक्षा समिती तशेंच कारवाय करपा खातीर देखरेख समिती स्थापन केल्या. पर्यटना संबंदीच्या आस्थापनां कडेन फायर एनओसी वा हेर सुरक्षा यंत्रणां नासलीं जाल्यार समिती कारवाय करतली, अशें ताणी सांगले. हॉटेल्स, बारीं, रेस्टॉरंटां, क्लब, वॉटरस्पोर्टस हांची तपासणी जातली. सुरक्षेचे उपाय नासल्यार परवानो रद्द करपाची कारवाय करपाचे आदेश दिल्यात.मजगती बर्च बाय रोमिओ लेन क्लबाचे धनी सौरभ लुथरा आनी गौरव लुथरा हांका थायलंडात पुलीसांनी ताब्यात घेतल्या. तांका बेगीनूच तपासा खातीर अटक करून गोंयांत हाडटले, अशें मुखेलमंत्री सावंत हांणी सांगले. क्लबाचे धनी सौरभ आनी गौरव लुथरा हे थायलंडाक पळून गेल्ले. सीबीआय तशेच इंटरपोलच्या मजतीन तांका अटक करपाचे पुलीसांचे येत्न सुरू आशिल्ले.

प्रसाद 80

2027 वर्सा पयलीं नव्या बोरी पुलाचो बुन्यादी फातर घालपाचे आश्वासन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिला .बोरी जिल्लो पंचायत उमेदवार पूनम चंद्रकांत सामंत हांचे प्रचारा खातीर बोरीच्या राघवेंद्र स्वामी सभाघरांत जाल्ले प्रचार सभेत ते

उलयताले. ह्या वेळार  मंत्री सुभाष शिरोडकर, भाजपा शिरोडा प्रभारी आनी वास्को आमदार दाजी सालकर, प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावाईकर, भाजपाचे सरचिटणीस सर्वानंद भगत आनी हेर मानेस्त  हाजीर आशिल्ले. भाजपा सरकार बायलां सत्तेचें आनी शेतकार सत्तेचें सरकार आसून मोदी सरकाराच्या आदारान बायलांक एक टक्के व्याजदरान पयशे मेळटात अशें तांणी सांगलें.

जिल्हो पंचायत उमेदवार - 80

राज्यात 20 डिसेंबराक जावपी जिल्हो पंचायत वेंचणुके खातीर 50 मतदारसंघानी 226 उमेदवार रिंगणात आसा. अर्ज फाटी घेवपाच्या दिसा 94 जाणांनी अर्ज फांटी घेतले. हाका लागून आता 226 उमेदवार उरल्यात. जिल्हो पंचायती खातीर 20 डिसेंबराक मतदान जावन 22 डिसेंबराक मतमेजणी जातली. उत्तर गोंयांत 25 जाल्या दक्षीण गोंयांत 25 मेळून 50 मतदारसंघ आसा. उत्तर गोंयांत 111 जाल्यार दक्षीण गोंयांत 115 उमेदवार आसा. काँग्रेस, भाजप, आरजी, गोवा फॉरवर्ड, मगो या पक्षानी उमेदवार दवरल्या. सध्या उमेदवार तशेच राजकी पक्षांचो नेटान प्रचार सुरू आसा.

सुभाष 100

फोंडा पत्रकार संघ आनी गिरिजाताई केळेकार संगीत संमेलन समितीन आयोजीत केल्लो ३७ वो स्वरसम्राज्ञी गिरीजाताई केळेकार स्मृति संगीत महोत्सव अंदूं १३ आनी १४ डिसेंबराक जातलो.  फोंड्या, फर्मागुडयेर,श्री गोपाळ गणपती देवळाच्या प्रकारात जावपी ह्या संगीत संमेलनाच्या उक्तावण सुवाळ्याचो मुखेल सोयरो म्हूण रविंद्र भवन साखळीचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमूलकर आसतले. गोवा मराठी अकादेमीचे अध्यक्ष प्राचार्य अनिल सामंत हे उक्तावण सुवाळ्यात मुखेल वक्ते आसतले. ह्या परिशदेंत मनोहर तिळवे, अनिल पिलगांवकार आनी वेणी माधव बोरकार हांचो भोवमान जातलो. सावनी शेंडे ,संतोष नाहर, अकरम खान संपदा माने ,अंबर मीरिंकर ऋषिकेश ढवळीकर आदी कलाकार ह्या दोन दिसांच्या संगीत संमेलनात तांची कला सादर करतले.

Weather – 50

फाटले कांय दीस गोंयांत शीं वाडलां. बिरेस्तारा मुरगांवां मोसमांतलें उण्यांत उणें 18.8 अंश सेल्सियस तापमानाची नोंद जाली. पणजे उण्यांत उणें तापमान 19 अंश

सेल्सियस आशिल्लें. पुडले स दीस गोंयांत उण्यांत उणें तापमान 20 ते 21 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय आसा. हे मजगतीं, फांतोडेर मध्यम स्वरुपाचें धुकें पडपाची शक्यताय हवामान उक्तायल्या.

Sports – 30

पिलार फादर्स संचालीत स्टार्स ऑफ सत्तरी हॉकी क्लबाच्या कनिश्ठ बायलांच्या पंगडान 15वी राज्य पांवड्या वयली हॉकी सर्त जिखली. पेड्डें-म्हापश्यां जाल्ल्या फायनलींत सत्तरीच्या पंगडान मायणा हॉकी पंगडाक 4-0 अशा हारायलो.